**कोरोनाच्या संभावीत तिसऱ्या ल्हाराचेर नियंत्रण दवरपाक सरकाराची यंत्रणां सज्ज आसात- मुख्यमंत्री**

ता. 10 जून 2021

कोरोना म्हामारीचे तिसरे ल्हार आयले जाल्यार ताचेर नियंत्रण दवरपाखातीर राज्य सरकारान आवश्यक पावला उबारून पुराय तयारी केल्ली आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज गोंय वैजकीय महाविद्यालय प्रकल्पातल्या सुपर स्पेशलीटी ब्लॉकात वेदांता कंपनीन आवश्यक उपकरणां आनी सुविधांसयत उपलब्ध केल्ल्या 100 खाटींच्या कोवीड उपचार वार्डाचे उक्तावण केले उपरांत उलयताना सांगले.

कोरोना म्हामारीक आडावपाखातीर राज्य तशेंच केंद्र सरकाराच्या प्रयत्नांक अनेक उद्देगांनी सहकार्य केल्ले आसून तांचेमदली वेदांता ही एक कंपनी आसा अशें सांगून मुख्यमंत्र्यान वेदांत कंपनीच्या कार्याची तोखणाय केली.

ह्या कार्यक्रमाक भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे, आमदार श्री. आंतोनियो फर्नांडिस, श्री. फ्रान्सिस्को सिल्वेरा, वेदांताचे मुख्य कार्यकारी अधिकारी श्री. सौविक मझुमदार, गोमेकोचे डीन डॉ बांदेकर , श्री संदीप जैन, वेदांताचे उप मुख्य कार्यकारी अधिकारी श्री सुजत शाह हजर आशिल्ले.

वेदांता कंपनीन कोरोना म्हामारीआड उपाय करपाखातीर सुमार 10 कोटी रूपया खर्च केल्यात आनी अनेक लोकांचो जीव वाचयला. तशेंच वेदांतान आयज मेरेन दीसपट्टे 3 टन लिक्विड मेडिकल ऑक्सिजनाची पुरवण केल्या. कोरोनाच्या तिसऱ्या ल्हाराक तोंड दिवपाखातीर राज्य सरकारन टास्क फोर्स आनी राज्य कार्यकारी समितीची स्थापना केल्या, अशीय म्हायती ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यान दिली.

भलायकीमंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांणी आपल्या भाशणात आयज प्रत्येकजण तिसऱ्या कोरोना ल्हाराच्या शक्यतेविशीं उलयतात

आनी ह्या ल्हाराचो भुरग्यांक चड धोको जावपाचो हुस्को उक्तायतात म्हणपाचे सांगले. हो संभाव्य धोको  लक्षात घेवन सरकारान गोंय वैजकीय महाविद्यालय प्रकल्पात नवीन सुपर स्पेशलिटी ब्लॉक सुरू केला आनी आवश्यक उपकरणां आनी सुविधा उपलब्ध करपाक पावलां उबारल्यात, अशें सांगले.

- म्हा /सप/ ऑप / विगां/ *2021/522*

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji